# राष्ट्रीय निबंध लेखन सर्त

पणजी, २७ सप्टेंबर, २०१८

आश्विन ५, १९४०

महात्मा गांधी हांच्या 150 व्या जयंती निमतान केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयाच्या शेती, सहकार आनी शेतकार कल्याण खात्यान “एग्रीकल्चरल वेस्ट टू वॅल्थ” ह्या विशयाचेर राष्ट्रीय निबंध लेखन सर्त भारतांतल्या विद्यालय, महाविद्यालय आनी विद्यापीठ पांवड्या वयल्या विद्यार्थ्यां खातीर आयोजीत केल्या. शेती कोयरा पासून निर्माण जावपी समस्या आनी प्रस्न सोडोवपा खातीर युवा विद्यार्थ्यां कडल्यान नवीन उपाय आनी तंत्रज्ञानाची संकल्पना मेळोवपा खातीर ही सर्त आयोजीत केल्या.

सर्तींत वांटो घेवंक इत्सूक आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी आपले निबंध म्हासंचालकाचें कार्यालय, नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ एग्रीकल्चर ऍक्सटॅन्शन मॅनेजमॅण्ट (एमएएनएजीई), राजेंद्रनगर, हैद्राबाद, 500030 तेलंगणा, ह्या नाम्याचेर 15 दिसां भितर म्होरबंद लखाट्यांत पोस्ट वा कुरियर करून धाडचे. चड म्हायती खातीर, www.manage.gov.in हाचेर भेट दिवची.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५९१